*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>प्रज्ञासोद परिक्षा केंद्रां जाहीर</u>**

ता. 25 ऑक्टोबर 2019

राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळा वतीन ता. 3 नोव्हेंबर 2019 दिसा गोंय राज्यांतल्या 12 तालुका केंद्रांचेर यत्ता धावेच्या विद्यार्थ्यांखातीर राज्य पावंड्या वयली राष्ट्रीय प्रज्ञासोद परिक्षा 2019-2020 आनी यत्ता आठवेच्या विद्यार्थ्यांखातीर राष्ट्रीय गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण परिक्षा 2019-2020 घेवपात येतली.

अवर लेडी ऑफ ग्रेस हायस्कुल, दिवचल; ज्ञानप्रसारक विद्यालय, म्हापसा; सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय, पेडणे; सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय, वाळपय; मॅरी इम्यॅक्युलेट गर्ल्स हायस्कुल, पणजी; ऐ. जे. आल्मेदा हायस्कुल, फोंडे; लॉयला हायस्कुल, मडगांव; युनियन हायस्कुल, सांगे; श्री मल्लिकार्जून विद्यालय, काणकोण; सर्वोदय एज्युकेशन सोसायटी हायस्कुल, कुडचडे; मातोश्री आनंदीबाय व्ही. मराठे विद्यामंदीर, तामसडो-धारबांदोडा आनी सेंट. जोसेफ इन्स्टिट्युट, वास्को ह्या केंद्रांचेर परिक्षा जातली.

उमेदवारांनी परिक्षेक येतना वांगडा प्रवेश कार्ड (हॉल तिकेट) हाडचे आनी परिक्षा सुरू जावचे आदी कमीतकमी अर्दवर पयली केंद्राचेर हजर रावपाक जाय.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/737

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA